पीएम दुबई 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत दुबयचे युवराज, उपप्रधानमंत्री आनी uaeचे संरक्षण मंत्री शेख हमदान बिन मोहम्मद अल मकतूम हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत हांणी मोदी हाणी सांगलें की भारत-युएई व्यापक रणनिती भागीदारी मुखार व्हरपाक दुबयची म्हत्वाची भुमिका आसा. ही खाशेली भेट भारत-युएईची खोलायेन रूजिलल्या इश्टागतची परत पुष्टी करता आनी फुडारात आनीक घटमुट सहकार्याचो मार्ग मेकळो करता

ताचे आदीं आयज भारत भेटीर आशीलल्या मानेस्तांनी परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांचे कडेन बसका घेतली. सोशल मिडियाचेर डॉ जयशंकर हांणी दोनूय राश्ट्रां मदल्या व्यापक सहकार्या विशीं आनी संबंदा विशी युवराजाच्या सकारात्मक भावनांची तोखणाय केल्या.

संरक्षण मंत्र्यान सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून ही बसका उत्पादक आसा अशें सांगलां. युएई कडेन आशिल्ली व्यापक रणनिती भागीदारी भारता खातीर महत्वाची आसा अशें तांणी सांगलें.

पीएम मुद्रा 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज प्रधानमंत्री मुद्रा येवजणेच्या लावाथ्यां कडेन आपल्या निवासस्थानी संवाद सादलो. 2015 वरसा सुरू केल्या ह्या येवजणेक आयज 10 वरसा पुराय जाता

आदीं दुर्लक्षीत आशिल्ले ह्या उपक्रमाक लागून सशक्त जाल्या अशें तांणी सांगलें आनी भारतांतल्या लोकां खातीर कांयच अशक्य ना अशें तांनी म्हणले.

असंख्य व्यक्तींक अर्थीक आदार दिवपाक आनी तांकां आपली उद्देजक कुशळटाय दाखोवंक मेळची म्हणून मुद्रा येवजण सुरू केल्या अशें मोदी हांणी सांगलें. देशांतल्या तरणाट्यांक सशक्त करप, तांकां आत्मनिर्भर करप फकत नोकरी सोदपी न्हय तर नोकरी निर्माण करपी जावपाची तांक दिवप असो हे येवजणेचो हेतू आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें.

मुद्रा ऋणाच्या लाभार्थ्यांपैकी रिणाचे 70 टक्क्यांवयर लवार्थी बायलो आसात, आनी सुमार सुमार अर्दे लवार्थी अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी हेर मागास वर्गांतले आसात अशें प्रधानमंत्रयानी नदरेक हाडलें. ह्या वेळार लावार्थ्यांनी आपले उद्देजकतेचे अणभव प्रधानमंत्र्यांक सांगले.

Nia 100

राष्ट्रीय तपास एजन्सी (एनआयए) न आयज हरियाणा आनी उत्तर प्रदेशांतल्या बब्बर खालसाचो आंतरराष्ट्रीय आतंकवादी सतींद्रजीत सिंग उर्फ गोल्डी ब्रार हांचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या जायत्या सुवातींनी सोद घेतलो. विदेशी आतंकवादी गोल्डी ब्रार आनी अमेरिकेंतलो गुंड रणदीप मलिक हांचे कडे दुबावीत आनी आरोपी संबंदीत आशिल्ल्या सुवातींचो एजन्सींन व्हडा प्रमाणांत सोद घेतलो. ही केस डिसेंबर २०२४ वर्सा गुरूग्रामांतल्या वेअरहाउस क्लब आनी ह्यूमन क्लबांत जाल्ल्या ग्रेनेड हल्ल्या कडेन संबंदीत आसा.

दोनूय राज्यांच्या वेगवेगळया जिल्ह्यांतल्या आठ सुवातींनी केल्ल्या सोदांत जायते इलॅक्ट्रॉनीक आनी हेर गुन्यांवकारी साहित्य मेळ्ळे. हल्ल्यांत वांटो घेवपी आरोपीं कडल्यान शस्त्रां, दारुगुळो आनी स्फोटक साहित्य जप्त केल्ल्या बॉम्बस्फोटाच्या घडणुके फाटल्यान आशिल्ल्या पुराय कटाची सुचोवणी मेळोवपा खातीर एनआयए कडल्यान ह्या साहित्याची तपासणी सुरू आसा.

Puri 130

अमेरिकेच्या दरवाडीचें बारीकसाणेन विश्लेशण करपाचो उलो केंद्रीय मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी मारला. अमेरिकेन लादील्ल्या शुल्कांक जाप दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी हे विशी बारीकसाणेन विश्लेशण करपाचो उलो मारलो. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना पुरी हांणी सांगलें की, कसलेच निर्णय घाइन घाइन घेवचे पयलीं शुल्का संबंदीच्या उदरगतीक परवानगी दिवक जाय.मंत्र्यांनी हाचेर भर दिलो की शुल्क खुपशा उद्देशां खातीर काम करता आणि त्याचे वेगवेगळे परिणाम जाऊंक शकता,

देखुन या मुद्द्याकडे सावधगिरीन आणि योग्य समजुतीन पळोवप आवश्यक आसा. वाणिज्य मंत्रालय परिस्थितीची सक्रियपणान तपासणी करता अशे त्यांनी आश्वासन दिले.

Sonowal 75

केंद्रीय बंदरा, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्री, सर्वानंद सोनोवाल हाणी आज सांगले की, केंद्र सरकार देशाक जागतिक सागरी शक्ति घरात रूपांतरित करपाच्या प्रयत्नात दृढ आसा. ताणी अशे निरीक्षण नोंदयले की भारताक त्याच्या विशाल दर्यादेग आणि धोरणात्मक स्थानासयत दर्या क्षेत्रात महत्त्वपूर्ण भूमिका निभावपाची आसा. सोनोवाल कोचीत इंडियन मेरीटाईम युनिव्हर्सिटी कॅम्पसात गर्ल्स हॉस्टेल कम लायब्ररी इमारतीची बुनयाद घाल्या उपरांत उलयताले. त्यांनी सांगले की, देशात दर्या प्रवासींच्या संख्येत लक्षणीय वाढ जाल्या जी गेल्या वरसा तीन लाख १७,००० परस अधिक जाल्या

आयपीएल 25

Ipl क्रिकेट सरतींत आयज Punjab Kings हो पंगड Chennai Super Kings पंगडा आड खेळटलो. हो खेळ चंडीगढांतल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमार सांजे साडे सात वारांचेर सुरू जातलो